**हळर्ण, कासरवर्णे आनी चांदेल-हंसापूर पंचायत वेंचणूकेच्या फाटभूंयेर सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निर्बंध**

ता. 7 डिसेंबर 2022

पेडणे म्हालातल्या हळर्ण, कासरवर्णे आनी चांदेल-हंसापूर पंचायत वेंचणूक मतदान आनी मतमेजणीच्या फाटभूंयेर हळर्ण, कासरवर्णे आनी चांदेल-हंसापूर पंचायत वाठारांतली सगळीं परवानाधारक सोरो विक्रीची बार्रां आनी दुकानां ता. 8, 9 आनी 11 डिसेंबर 2022 दिसा बंद दवरपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात. बार्र आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार्र काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या काळांत हळर्ण, कासरवर्णे आनी चांदेल-हंसापूर पंचायत वाठारांत सोऱ्याची येरादारी करपाक वा लागी बाळगुपाकय निर्बंध लागू केल्ले आसून खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/764

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji